# ज्येश्ठ नागरीकांचो सन्मान-अर्ज करपाक मुदत वाड

ता. 10 सप्टेंबर 2018
19 भाद्रपद 1940

समाज कल्याण संचालनालयावतीन ता.1 ऑक्टोबराक संवसारीक ज्येश्ठ नागरीक दिसा राज्य पावंडयावयल्या कार्यक्रमात राज्यातल्या 14 नामनेच्या ज्येश्ठ नागरीकांचो मानचिन्ह, शाल आनी श्रीफळ भेटोवन सत्कार करपात येतलो. ल्हान तालुक्यातल्या एक आनी व्हड तालुक्यातल्या दोग ज्येश्ठ नागरीकांची सत्काराखातीर निवड करतले.

समाज कल्याण संचालनालयान ज्येश्ठ नागरीकांकडल्यान अर्ज स्वीकारपाची मुदत 18 सप्टेंबर 2018 मेरेन वाडयल्या.

चड माहितीखातीर पालवी संचालक (समाज संरक्षण विभाग)समाज कल्याण संचालनालय फोन नं. 2232257, 2223784 आनी संकेत थळ ीललरश्रुशश्रषरीशसेरडीशवळषषारळश्र.लो चेर संपर्क करचो.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1525